**‘‘मानवता कार्याचें तीस दीस”- पुस्तकाचे प्रकाशन जालें**

ता. 16 डिसेंबर 2021

केरळाचे लोकायुक्त, सर्वोच्च न्यायालयाचे निवृत्त न्यायाधिश श्री. सिरियाक जोसेफ हांच्या हस्तुकीं आयज राजभवनार “मानवता कार्याचें तीस दीस” (“Thirty Days of Mission Humanity” ) ह्या कॉफी टेबल बुकाचे प्रकाशन करतले.

हे पुस्तक राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी 8 ऑक्टोबर 2021 ते 7 नोव्हेंबर 2021 मेरेन केल्ले दौरे आनी कार्यक्रमांचेर आसा.

ह्या वेळार उलयताना राज्यपालान बांगलादेशाच्या लोकांनी स्वातंत्र्याखातीर केल्ल्या चळवळीचो उगडास करून तांची चळवळ ही मानवतेखातीर आशिल्ली अशें म्हणले. सर्जनशील लेखक आनी विचारवंत समाजात व्हड बदल घडोवन हाडपाक शकतात, अशेंय तांणी म्हणले.

ह्या वेळार राज्यपाला हस्तुकीं ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतवंत श्री. दामोदर मावजो आनी अती विशिश्ट सेवा पदक विजेते गोंय विभागाचे ध्वजाधिकारी (फोगा)रियर एडमिरल फिलिपोज जॉर्ज पिनुमुट्टील हांचो सत्कार जालो.

तशेंच राज्यपालान 5 समाज सेवा संस्थांक आनी 10 डायलिसीस दुयेंतींक अर्थीक मदत भेटयली.

श्री. दामोदर मावजो आनी रियर एडमिरल फिलिपोज जॉर्ज पिनुमुट्टील हांणी राज्यपालांच्या मानवता कार्याची तोखणाय केली.

निवृत्त न्यायाधिश श्री. सिरियाक जोसेफ हांणी राज्यपालांच्या कार्याची तोखणाय करून प्रत्येकान धर्मनिरपेक्ष आनी लोकशाय भावनेतल्यान सगळया धर्मांचो आदर करपाचो उलो मारलो. जगात आनी जगपाक मदत करात हे राज्यपालांचे तत्व आशिल्ल्याचें तांणी म्हणले.

राज्यपालांचे सचीव श्री. मिहीर वर्धन हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. आनी श्रीमती मेजी डिसा हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1055

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji